# पिंकी पिंकी काजुले

पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालय

मडगांव गोंय

Fr60 1962-2022

वर्स 16 अंक 06

एप्रील 2023


उमेदींत लिकलिकत, आयले चोंब्यानी काजुले

आंगानआंग पर्जळ्ळे कोंकणी साहीत्याचे मळे.

# तीन वर्सांचो नव अणभव .....“मन की बात”.....



**समिक्षा नाईक**

हांव समिक्षा सुर्यकांत नाईक. पार्वतीबाई चौगुले कला आनी विज्ञान महाविद्यालयांत हांवें 2020 वर्सा प्रवेश घेतलो. हांवें बि. ए. करपाक कोंकणी आनी हिंदी हे दोन विशय घेतले. ह्या महाविद्यालयांत शिकपाक प्रवेश घेवपा फाटलें कारण अशें आसलें की म्हाका जे दोन विशय घेवपाक जाय आसले ते हांव ह्या महाविद्यालयांत घेवपाक शकलें. म्हाका ह्या महाविद्यालयांत प्रवेश मेळ्ळो पूण त्या वेळार एक आडखळ आयली. ती म्हणल्यार कॉरोना महामारी. त्या खातीर आमकां महाविद्यालयांत वचपाक मेळनासलें. ह्या आडखळीचें समाधान म्हणल्यार आमचें शिक्षण ऑनलायन जालें. शिक्षण ऑनलायन जाल्ल्या कारणान आमकां पुराय एक वर्स महाविद्यालयांत वचपाक मेळूंक ना. मागीर आमी दुसऱ्या वर्साक आसतना वचपाक सुरवात केली. तेन्नाच्यान आमच्या महाविद्यालयाचो प्रवास सुरू जालो अशें म्हणपाक जाता. ह्या महाविद्यालयांतल्या सगळ्याच विभागांनी कितल्योशोच सर्ती जातात. हांवें कांय सर्तींनी वांटो घेतलो.

9 एप्रील 2022 ह्या दिसा कोंकणी विभागान कोंकणी दीस मनयल्लो. त्या दिसा कांय सर्ती दवरिल्ल्यो. तातूंत म्हाका ‘वॅल्त आव्ट ऑफ वेस्ट’ ह्या सर्तींत पयलें इनाम मेळिल्लें. 20 ऑक्टोबर 2022 ह्या दिसा बॉटनीच्या विभागान फुलांची रांगोळी घालपाची सर्त दवरिल्ली तातूंत हांवें आनी म्हज्या इश्टिणीन वांटो घेतिल्लो. 16 जानेवारीक ‘अस्मिताय दीस’ मनयता आसतना हिस्ट्री विभागान कांय सर्ती दवरिल्ल्यो, तातूंत हांवें आनी म्हज्या इश्टिणीन ‘पोस्टर मेकींग’ ह्या सर्तींत भाग घेतिल्लो. तातूंत आमकां दुसरें इनाम मेळिल्लें. परत म्हज्या इश्टिणीन आनी हांवें फिलोसोफी विभागांतल्या ‘पोस्टर मेकींग’ ह्या सर्तींत भाग घेतिल्लो, आनी आमकां त्या सर्तींत पयलें इनाम मेळिल्लें. हांव दुसऱ्या वर्साक आसतना तिसऱ्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांच्या निरोप सुवाळ्याक हांवें आनी म्हजे इश्टिणीन सूत्र संचालन केलें. तेन्नाच हांवें पयले फावट सूत्र संचालन केल्लें. आमच्या कोंकणी विभागान घडोवन हाडिल्लो ‘सृजनोत्सव’ खूब बरे तरेन जालो. सृजनोत्सवा वेळार कितल्योशोच सर्ती दवरिल्ल्यो. तातूंतल्या ‘वॅल्त आव्ट ऑफ वेस्ट’ ह्या सर्तीचें हांव संयोजक आशिल्लें. तेन्ना ह्या सर्तीचें सूत्र संचालन हांवें केलें. 9 एप्रील 2023 कोंकणी दीस मनयल्लो तेन्ना त्या कार्यावळीचें सूत्र संचालन हांवें केलें. आमचे कोंकणी विभागांतले वांगडी तशेच शिक्षक लेगीत आमकां मदत करपाक हजर आसतालीं. म्हाका फुडाराक शिक्षक जावपाक जाय, त्या खातीर हांवें बी.एड. करपाचें थारायलां. बी.एड. करपाक दुसऱ्या महाविद्यालयांत प्रवेश घेवपाक एक परिक्षा दिवची पडटा. त्या परिक्षेक आमकां तयार करपाक कोंकणी विभागांतली मॅम ग्लिनीस हांणी आमकां मार्गदर्शन केलें.

ह्या तीन वर्सांनी हांव खूब कितें शिकलें. ह्या तीन वर्सांनी म्हजी नव्या नव्या लोकांककडेन वळख जाली. कोंकणी विभागाचो मुखेली डॉ. गुणाजी देसाय सरान आमची लेखिका माया खरंगटे आनी मीना काकोडकर हांचे कडेन भेट घडोवन हाडली. ह्या तीन वर्सांच्यो आमच्यो कितल्योशोच यादी आसात. खंयच्याय कार्यावळी पयलीं तयारी करतालीं तेन्ना सगळीं मेळून बरे तरेन करतालीं आनी तेन्ना खूब मजा येताली. आमचो तिसऱ्या वर्साचो प्रकल्प करतना आमकां खूब त्रास जाले. पूण आमी मजा सुद्धा केली. आमी ह्यो सगळ्यो बऱ्यो यादी आमचे वांगडा वता आसतना घेवन वतलीं आनी आमच्या काळजांत त्यो सदांच तिगून उरतल्यो. कोंकणी विभागाचे उपकार मानता तितले थोडे.





**संपादक मंडळ -**

**संपादक – ग्लिनीस डायस**

**मार्गदर्शक – डॉ. गुणाजी सदानंद देसाय**


**भितरल्या पानार -**


| | |
|---|---|
| आमकां मेळिल्ल्यो संदी | 02 |
| याद काडटना | 03 |
| मनांतले उमाळे | 04 |
| म्हजी कला | 05 |
| आमचो एकवट | 06 |

# आमकां मेळिल्ल्यो संदी



तेजू पाटील

## चौगुले कॉलेजीन म्हाका जायत्यो संदी दिल्यो



अनीशा डिसोजा

कॉलेज जीण हो एका व्यक्तीच्या जिवीतांतलो एक व्हड उमेदी आनी मोगाळ काळ. कॉलेज आमकां पुराय तरेन नवे अणभव उक्ते करता.

2020 वर्सा चौगुलेंत प्रवेश घेतलो तेन्ना कॉलेजी विशीं कांयच खबर नाशिल्लें. पूण काउन्सलिंगाच्या वेळार गुणाजी सराकडेन उलोवन धिरदायक दिसलें. कोंकणी विशयांत प्रवेश घेतना खास अपेक्षा अशो कांय नाशिल्यो पूण कोंकणी भाशेकडेन आमी आनीक मातशें लागीचें नातें घडयतलीं अशें दिशिल्लें. तें तशें घडलेंय बी. कोंकणी विभागा वतीन जायते मोलादीक अणभव मेळ्ळे.

कॉलेजीच्या कॅम्पसांत जी आमी जीण सारची ती कॉरोना दुयेसांन आमकां एक पयलें वर्सभर घरा बसोवन दवरलें. कॉलेजींतले सुखाचे दीस हासोन खेळोन सारचे ते ऑनलायन वर्गानी घालयले. ह्या सगळ्या आड कॉलेजीच्या वावुरप्यानीय आमकां बरें सांबाळ्ळें.

कांय महत्वाचे खीण म्हणल्यार CA's फुडें व्हरपा खातीर शिक्षिकेक परत परत सांगप आनी ती करतालीय, सिंगल मेजर्स आनी डबल मेजर्सा मदलीं झगडीं, लॅक्चर ना म्हणल्यार उमेदीन घरा येवप हें सदांचेच. अभ्यासाच्या माध्यमांतल्यान लेखकांच्योय भेटी जाल्यो. आनीक एक महत्वाचो प्रसंग आमच्या तिसऱ्या वर्सांत आसतनाचो, कोंकणी विभागाचो प्रकल्प करतना. ह्या प्रकल्पांतल्यांन आमी खूब कितें शिकलीं. रातीचे दीस करून प्रकल्प पूराय केलो.

चौगुले महाविद्यालयांत म्हाका पयलीं बक्षिस मेळ्ळें तें 2021 वर्सा. कॅमेस्ट्री विभागान आयोजीत केल्ल्या ऑनलायन रांगोळी सर्तींत हावें पयलें इनाम मेळयलें. उपरांत इकोनोमिक्स विभागान आयोजीत केल्ली पोस्टर तयार करपाची सर्त जातूंत परतेंय पयलें इनाम फावो जालें. फुडें स्टूडेंट्स कॉउन्सिलावतीन केल्ली एक चित्रकला सर्त जंय हातीचो वापर करीनासतना चित्र तयार करप. तातूंत दुसरें इनाम मेळ्ळें. मागीर आमचो कोंकणी विभागाचो सृजनोत्सव. चित्रकलेंत पयलें इनाम. तेच तरेंन फिलोसोफी आनी हिस्ट्री विभागान आयोजीत केल्ले पोस्टर तयार करपाचे सर्तींत पयलें आनी दुसरें इनाम मेळ्ळें. सगळ्यांत महत्वाचें तें म्हणल्यार कलेक्टर ऑफिसावतीन आयोजीत केल्ले मतदार दीसा आयोजीत केल्ले चित्रकाडपा सर्तींत म्हाका तिसरें इनाम फवो जालें.

फुडाराक म्हाका फाइन आर्ट्सांत प्रवेश घेवपाचो आसा. कोंकणी विभागान म्हाका म्हजी प्रतिभा दाखोवपाक जायत्यो संदी दिल्यात.

हावेन 2020 वर्सा चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेतलो तेन्ना कॉलेजी विशीं म्हाका कांयच म्हायती नाशिल्ली. पूण गुणाजी सरा कडल्यान म्हाका कॉलेजी विशीं खूब म्हायती मेळ्ळी. कोंकणी म्हजो आवडटो विशय आशिल्लो ताका लागून हांवें कोंकणी विशय घेतलो. कोंकणी विशीं म्हाका आनी खूब जाणां जावंन घेवपाचें आसलें आनी हांव हांगा कोंकणी विशीं खूब कितें नवें शिकलें.

कोंकणी विभागा वतीन जायते मोलादीक अणभव मेळ्ळे. कॉलेजीच्या कॅम्पसांत जी आमी जीण सारची आसली ती कॉरोना दुंयेसान वगडायली. आमकां वर्सभर घरा बसोवन दवरलीं. वर्स भर आमी ऑनलायन क्लासींत हासोन शिकून दीस काडले आनी खूब नव्यो गजाली शिकलीं. म्हाका कांयच आडखळी येवूंक नात.

चौगुलेंत जेन्ना कोंकणी विभागाचो, सृजनोत्सव जालो तातूंत मेंहदी सर्तींत म्हाका पयलें इनाम मेळ्ळें. तेच तरेन महत्वाचे म्हणल्यार कलॅक्टर ऑफिसावतीन आयोजीत केल्ल्या मतदार दिसाचेर चित्र काडपाची सर्त आसली आनी तातूंत दुसरें इनाम फावो जालें. फुडाराक म्हाका एम.ए. करून शिक्षक जावपाची इत्सा आसा. कोंकणी विभागान म्हाका म्हजी प्रतिभा दाखोवपाक जायत्यो संदी दिल्यो.



# याद काडटना



दिव्या मराठे



शावीरा गोम्स

12 वे चो निकाल आयल्या उपरांत व्हड खोशयेन हांवें चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेतलो. कित्याक तर हें व्हड नामनेचें महाविद्यालय म्हूण. हांगा जायत्यो कार्यावळी जातात. खेळपाक, शिकपाक आनी चड म्हत्वाचें भुरग्यांची उदरगत. 2020 वर्सा कोवीड महामारेक लागून आमचे कॉलेजींतलें पयलें वर्स ऑनलायन जालें. आमी कॉलेज लायफ देड वर्स एन्जॉय करपाचीं सपना सपनांच उरलीं. कितले हावेस आशिल्ले आमचे फ्रेशर्स पार्टी आसतलीं, आमी बरे-बरे कपडे घालून येतलीं, फिल्डट्रीप आसतल्यो, आमी इश्टां-मित्रां वांगडा भोंवतलीं, पूण हें ऑनलायन जावन आमचे खुशालकायेक गिराण लागलें. ऑनलायन क्लास जॉयन जावपाक नॅटवर्का खातीर आख्खें घरभर धांवचें पडटालें, जाल्यार केन्ना एकाच जाग्यार बसून फाट दुखून येताली. आमी तरी घरा आसतालीं पूण शिक्षक बाबडीं सदांच कॉलेजींत वचून आमचे ऑनलायन क्लास घेतालीं. असल्या वेळार आमचे शिक्षक आमकां जायते समजून घेताले.

सुमार देड वर्स ऑनलायन क्लास करून अखेरेक आमी खरें कॉलेज लायफ कशें आसता तें जगली. आमचे खोशयेक शीम मेर नासली, आमच्या ऑनलायन इश्टांक मेळपाक, पयलीं आमी एकामेकांक फक्त ऑनलायन पळयतालीं. एकदम अनवळखी आसलीं आतां एक फामील कशी जाली. टिचर कितें शिकयता तें अर्दकुटें आयकप, शिकयतना मदीं मदीं आमचीं फकाणां करप, सराचो एकूच डायलॉग आयकप "तें जनेंल पळयलां?" फक्त इतलेंच आयकलें की आमकां फुडें कितें करपाचें ते कळटा. मॅमा वांगडा केल्लीं फकाणां आनी केन्नाच सक्सेसस्फूल जावपाक पावली ना ती ट्रिप आनी टूर प्लेनींग.

पूण लास्ट मिनट कितें कार्यवळ घडोवन हाडपाक सगळी धडपड करून ती यशस्वी करतात.

अशो आनीकूय खूबशो यादिस्तीक गजाली आसात. 'राजा कोबरा' 'दुकरे' 'बोफॅन' हीं उतरां कानाक पडले की तोंडाक हांसो सुट्टा. केन्ना केन्ना, लॅक्चर चुकोवन भायर जेवणाक वचप. कॉलेज लाइब्ररिन केल्लीं कांडां. वुड्सांत आनी बेस्टे बसून आमी जगा भायल्यो खबरो करप. अशे खूबशे खीण आमी हांसत खेळत सारल्यात. आतां कॉलेज सोंपत आयली, हे सगळे खीण खूब याद येतले.

## कॉलेजींतले ते दीस

पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयांत 2020 वर्सा हांवें प्रवेश घेतलो. कॉरोनाचो काळ आशिल्यान आमकां कोणाकूच कोलेजींत येवंक मेळ्ळें ना. आमचें शिक्षण ऑनलायन जालें. आमी कोण एकामेकाक वळखनाशिल्लीं, पूण मोबायलाचेर एकामेकाक कॉनटेक्ट करून वयल्या वयर वळखून घेतलें. परीक्षे वेळार एकामेकाक कॉनफरन्स कॉल करून खूब कितें विचारलें. अशे तरेन आमी आमचे परीक्षेक बरयले. ऑनलायन क्लासी वेळार केन्ना न्हिदलीं आनी केन्ना टि. व्ही. पळयली. एक वर्स कशें गेले तें कळ्ळें ना. बी.ए. च्या दुसऱ्या वर्सा कॉरोना उणो जालो तेन्ना आमकां कॉलेजींत येवंक संधी मेळ्ळी. थोडीं भुरगीं सिंगल मेजर आनी थोडीं डबल मेजर आसलीं. ऑक्टोबराच्या 13वेर हांव म्हज्या इश्टीणी क्रायजा सांगाता कॉलेजींत आयलें. हांव आनी क्रायजा आदीं एकूच वर्गांत शिकतालीं आनी अशें जाल्ल्यान आमकां बरें जाल्लें. पूण आमच्याच वर्गांतल्या दुसऱ्या भुरग्यांक जेन्ना आमी पळयलें तेन्ना आमी तांकां वळखूंक ना. जेन्ना आमी सराक मेळ्ळीं तेन्ना सरान म्हणले 'तुमी म्हज्या विभागाचीं भुरगीं न्हय' पूण जेन्ना मास्क काडले तेन्ना ताका कळ्ळें. बी.ए. च्या दुसऱ्या वर्साक आसलीं तेन्ना आमी सगलीं एकामेकाक वळखलीं. एकामेकाच्या मोगान पडलीं, घट इश्टीणी जालीं. आमी सिंगल मेजराचीं स भुरगीं आशिल्ली (हांव, क्रायजा, अनामिका, श्रेया, दिव्या, सोहम) आनी ही शिकपाची यात्रा करतना आमी एक फामील कशीं जालीं. पूल पार्टी करप, क्लास बंक करप, भायर जेवण जेवूंक वचप आनी फाल्यां परिक्षा आसा म्हणल्यार आयज कॉलेजीच्या कॅंटींनांत बसून शिकप आनी एकामेकांक शिकोवप. आमचे क्लासींत एकटोच चलो आसलो. तो आमचो भाव कसो आसलो, क्लासींत चड लक्ष दिनासलो आनी परीक्षे वेळार 'म्हाका कितें सांगा गो' म्हणत येतालो. मागीर ताका बसोवन शिकोवप आसले.

आतां तिसऱ्या वर्सा पावलीं. हया वर्सांत म्हाका एका चल्याचेर क्रश आसलो. सुरवातेक कोणाक सांगूक ना. क्रायजाक एक दीस कळ्ळें, ताणें उरिल्या पांच जाणांक सांगलें. एका दिसा म्हाकाय क्रायजा आनी दिव्याचे क्रश कोण ते कळ्ळे. आनी अशी एकामेकाक चाळोवन दीस सारप जालें. आमी दिल्ल्या नांवान एकामेकाक चाळोवप. नाटकाच्यो एसायो मारताना ज्यो यादी केल्ल्यो त्यो विसरूंक नजो. लास्ट इयर म्हणून तथास्तू बरोच फुलयलो. आतां हे मजेचे दीस सोंपत आयले. पयलीं दिसतालें केन्ना काय कॉलेज काबार जांवची पूण आतां नाकाशें दिसता. हांव आतां दीस मेजतां. चिंतूंन ते वाडतले म्हूण पूण उणे जायत वतात. आतां दिसता की काय बरें जाल्लें आमच्यानी वेळ थांबोवक जाल्लो जाल्यार. पूण अशें करूंक जायना. दुख जाता हे कॉलेजींतल्यान वता म्हूण. पूण ताच्या परस चड खोस भोगता की हे कॉलेजींत येवपाची संधी मेळ्ळी म्हूण. हे कॉलेजीन म्हाका उगडासाक उरपा सारक्यो जायत्यो यादी दिल्यात त्यो विसरूंक जायनात. ते फकांणां मारून सारिल्ले दीस, रागान, सुखान आनी मोगान सारिल्ले दीस आनी त्या क्रशांक पळोवपाचे दीस परत मेळचे नात. एक मात कोणाच्यान आमचे कडल्यान वरूंक जावचें ना तें म्हणल्यार हया कॉलेजीन दिल्लें नांव ते हें **"वि द टायगर्स, चौगुले टायगर्स"**. मोगाचो सर गुणाजी सदानंद देसाय आनी शिवानी मॅम हांका विसरूंक जायना. तशेंच ग्लिनीस मॅम जाणे भयणी भाशेन आमकां सांबाळ्ळीं. ही वळ म्हज्या इश्टांक **"एकामेकाक दिलो सांगात. आसतना सुखा- दुखांत, आतां चिंतलां व्हरुंक तो इश्टांचो सांगात, पावलां मारताना तीं फुडाराचीं"**. तुमची सगळयांची खूब याद येतली. म्हाका तुमचेर मोग आसा.

# मनांतले उमाळे

## म्हजो तीन वर्सांचो अणभव पार्वतीबाई चौगुले कला आनी विज्ञान महाविद्यालयांत



**रीया डायस**

12 वेच्यो परिक्षा निक्त्योच सोंपिल्ल्यो आनी आमकां लागलेलें पिशें कॉलेज लायफाचें, पूण नशीबाक बुराक पडिल्लो. कित्याक तर त्या वर्सा Covid-19 नांवाची पिडा आयली आनी सगळेंच पाड पडलें. हांव व्हडा खोशयेन चौगुले महाविद्यालयांत भरती जाल्लें. हांव एक डबल-मेजर विद्यार्थी, म्हजे दोन मुखेल विशय म्हणल्यार कोंकणी आनी इतिहास. म्हज्या दोनूय विशयांच्या शिक्षकांनी मोगान आनी आपलेपणान म्हाका तांच्या विभागांत येवकार दिल्लो. कॉलेज कोमेस जातना ऑनलायन जाल्ली आनी आमची कॉलेज लायफाचीं सपनां सपनांच उरलीं. आमचें पयलें वर्स ऑनलायन सुरू जाल्लें, घरांत सावन शिकूंक मनूच लागनासलें. कारण तें शिक्षणाचें वातावरणूच नाशिल्लें आनी दुसरे वाटेन Covid-19 हे पिडेन सगळ्या वाटेनी भिरांत शिंपडायल्ली. आमच्या शिक्षकांनी जाता ते भशेन आमी वाजेनासतना उमेदीन शिकोवपाक तरा तरांच्यो मांडण्यो काडून आमकां आमचे विशय बरे तरेन शिकोवपाचो प्रयत्न केलो. आमकां आमच्या शिकपांतल्या विशयांचेरूच न्हय तर त्या वेळार शिंपडिल्ल्या मारामारीचेरूय काळजी कशी घेवप हाचेर शिकप दिलें. पयलें वर्स हे परी ऑनलायन काडलें. दुसरें वर्स ऑनलायन सुरू जाल्लें, अर्द वर्स जाता म्हणसर Covid-19 मारामारी मातशी उणी जाल्ली आनी महाविद्यालयां उक्तीं जाल्लीं. ही खबर आमच्या कानार पडनां फुडें आमचे खोशयेक शिंममेर उरली ना. आमी कॉलेजीक वचूंक फुल्लीं. कित्याक आमचे खातीर ती कॉलेज्यांत पयलीच फावट आशिल्ली. दोळयांत तेल घालून ह्या दिसाची वाट आमी पळयतालीं. कॉलेजीचो पयलो दीस. तो आनंद, इश्टाक मेळपाची ती उमळशीक वेगळीच आशिल्ली. ती खुशालकाय उतरांनी सागूंक नजो, कॉलेजींत भुरग्यांचो सगळे वाटेन आवाज, शिक्षक वर्गांत शिकयता, आमी इश्टां मित्रां फकांणां मारतात, कॉलेज सोंपतकच बरोबर भोंवपाक वचपाचें हें सगळें चालू जालें. कॉलेजीचें वर्स अर्द जाल्ल्यान जायत्यो कार्यावळी करूंक आमकां मेळूंक नात, पूण ऑनलायन क्लास आशिल्ली ती ऑफलायन जाली हाचीच चड खोशी जाल्ली आनी तें वर्स मौजेन आमी सारलें.

दोन वर्सां कितले बेगीन धांवलीं कळूंकच नातत आनी केन्ना आमचें तिसरें आनी निमाणें वर्स दारार येवून उबें रावलें कळ्ळेंच ना. हें एकूच वर्स कॉलेजीचें खरेपणान पुरायतरेन आमकां सारूंक मेळ्ळें. ह्या वर्साच्या सुरवातेकूच सृजनोत्सव हो कार्यक्रम कोंकणी विभागान घडोवन हाडलो. हो आमच्या कोंकणी विभागाचो आमका अणभोवपाक आनी मनोवपाक मेळपी पयलो उत्सव आशिल्लो. आमी ताचे तयारेक तशेंच तातूंत भाग घेवपाक खूब वेस्त जाल्लीं. जितलो चड वेळ आमी बरोबर सारलो, तितली आमची इशटागत घट जाल्ली. म्हज्या इतिहास विभागांन आमकां फिल्डट्रीपीक व्हेलीं. आनी जायत्यो नव्यो सुवातो आमी पळेल्यो आनी तांचे विशीं शिकलीं. तशेंच हालीं आमी आमच्या महाविद्यालयाचो सगळ्यांत व्हडलो इवेन्ट मनोयलो **तथास्तू.** सगळ्या विभागांचीं भुरगीं एक फामील कशीं एकठांय येवून आमी तो व्हडा दबाज्यान मनयलो. आमी खूब भागी कित्याक आमच्या महाविद्यालयांत फक्त शिकपूच न्हय तर खेळ, तरा- तरांच्यो कार्यावळी, सर्ती आयोजीत करतात. भुरग्यांनीं तातूंत वाटो घेवचो आनी तांचे पुराय तरेन विकास जावचो हो हेतू.

दर एक गजाल जी सुरू जाता ती एक वेळ पावतकच सोंपताच. तेच तरेन हो आमच्या जिवीताचो आनीक एक खाशेलो भाग “कॉलेज लायफ” सोंपपाक आयलें. चिंतल्यार काळजाक खंत भोगता की खंयच्यान तीन वर्सां धांवलीं काय म्हण. हांव म्हाकाच एक नुस्तें जलजीवशाळेंत घातलेलें कशें दिसता. पयलीं कोणाक वळखनासलें. वोगीच आसतालें. पूण जसो वेळ गेलो आमची एकामेका कडेन वळख जाली आनी एक फामील जाली, त्या जलजीवशाळेंत सगळीं नुस्तीं वांगडा पेंवताना पळोवन मन धादोशी जाता.



**अनामिका रोड्रीगीस**

हांवें म्हज्या कॉलेजीच्या जिविताचो पुराय आनंद घेतिल्लो आनी म्हज्या जिवितांतले कांय उत्कृश्ट कॉलेजीचे दीस गेले. हांवें कॉलेजींत प्रवेश घेतलो तेन्ना सगळे लोक म्हजे खातीर नवे आशिल्ल्यान म्हाका खरोच भंय दिसतालो. पूण रोखडेंच, हांवे म्हज्या कॉलेजीच्या जिविताचो आनंद घेवंक सुरवात केली आनी कांय बरे इश्ट जोडले. म्हज्या कॉलेजींतल्या सगळ्या गजालींचो म्हाका मोग आशिल्लो आनी भोव थोडया कार्यावळींनी हांवें वांटो घेतिल्लो. हातूंतली एक बरी गजाल म्हणल्यार दर दिसा नवो अणभव मेळटा. अभ्यासा वांगडा म्हज्या इश्टांकडल्यान हेर जायत्या गजालींचो आनंद मेळटालो. आमी जायत्या सुवातींनी भोवलीं, नवे अणभव आयले आनी जायत्यो नव्यो गजाली शिकून घेतल्यो. आमच्या कॉलेजीचें कॅन्टीन म्हज्या कॉलेजीच्या जिवितांत एक उल्लेखनीय सुवात आशिल्ली. कारण वेळ मेळटा तेन्ना आमी कॅन्टीनांत थंडसाण घेतालीं.

जेन्ना पयलेच फावट हांवे कॉलेजींत पावल दवरलें तेन्ना हांव आमच्या वर्गांतल्या चडशा जाणाक कोणाक वळखनासलें. पूण केनजीया आनी हांवें इकरावी आनी बारावी वांगडा केल्ल्या कारण आमी दोगांय एकामेकांक वळखतालीं. आमी दुसऱ्या वर्साक आसली तेन्ना आमी दोगांय कॉलेजींत बरोबर येतालीं. तशें हांव क्रायजाक पयलें सावून वळखतालें पूण तितलें उलोवपाक वचनासलें. पूण दुसरें वर्स सोपता म्हणल्यार केनजीयान कॉलेज सोडली. मागीर हांव क्रायजा, शावीरा, दिव्या हांच्या बरोबर भोवपाक लागलें. लव्हू लव्हू आमचो एक ग्रुप जालो. अशीं आमी खूब भोंवली. क्लास बंक केल्ल्यो, पूल पार्टी केल्यो आनी कॉलेजींतल्यो खूब बऱ्यो यादी केल्यो. आतां कॉलेज सोंपता म्हूण खूब दुख जाता. तशेंच आमच्या मोगाच्या शिक्षकांनी आमकां खूब आदार केल्ल्या खातीर तांकां बरें मागतां. निमाणे कडेन म्हज्या सांगाता ह्यो सगल्यो आमच्यो मोगाच्यो यादी घेवून वयता आनी त्यो सदांच म्हज्या काळजांत आसतल्यो.

# म्हजी कला



## सोहम धारगळकर

नमस्कार हांव सोहम धारगळकर. म्हजी तीन वर्सांची वाटचाल सांगप म्हणल्यार, 2020 हांवें चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेतलो. म्हाका चौगुलेंत शिकपाची आवड आसली. कारण कला ही म्हज्या रगतान आसा आनी चौगुले कलेच्या मळार आपले नांव गाजयत आसता. जेन्ना हांवे चौगुलेंत प्रवेश घेतलो तेन्ना कॉरोना ही महामारी पुराय जगांत पसरिल्ली आनी आमचें शिक्षण ऑनलायन जालें. वर्गांत 15 चलयो आनी हांव एकटोच चलो हे पळोवन मातसो बेजारसो आयलो. जेन्ना भुरग्यांकडेन ऑनलायन उलोवप जालें तेन्ना कळळें. की आमचो विभाग बरो आसा. पूण केन्ना कोणाची तोंडा प्रत्यक्ष पळोवंक नासली सगळीं आपल्या तोंडार मास्क घालून येतालीं आमचे लेक्चर चालू जाले. हांव अर्दो न्हिदेन आसतालो आमकां गोरख सर, जोस्मीता मीस, गुणाजी सर हांची वळख जाली. तशेंच दीस वताले परीक्षा लागी पावली, प्रस्न पळोवन म्हजे सगळ्याक फोन. तेंकाय कळना म्हाकाय कळना तरी आमी सगळी एकामेकाक मदत करतालीं.

नोटीस आयली कॉलेजींत येयात. आमी गेली पूण फोनार उलोवपी मनशां प्रत्यक्षांत जाप करपाक जड. डीपीचेर एक आनी मुखार एक, हांव कनफ्यूज. कॉरोना कमी जालो. मास्क घालून क्लासी चालू जाल्यो. दुसरें वर्सांक सर गुणाजी, मॅम ग्लिनीस, शिवानी आनी सियालीनी ही आमकां शिकयतालीं. सर गुणाजी एच. ओ. डी आशिल्ल्या कारणान आमी तांकां भितालीं. पूण ज्यो आमच्यो मॅम आसात तांचे कडेन आमी सामकी घट्ट कशिल्ल्याय कठीन वेळार तीं आमकां मदत करतालीं. सरान तर आमकां पयलेंच दिसाक सांगिल्ले की आपूण आस्तना भियपाची गरज ना. आमच्या विभागांत खुबशे कार्यक्रम घडोवन हाडिल्ले. दोन फावटी गायन स्पर्धा घडोवन हाडिल्ली तातूंत दोन फावटी हांव विजेता जालो.

इंटर कॉलेज पेडणे कॉलेजींत खुबशो सर्ती आसल्यो आनी लॉकडाउना उपरांत (एक्साट्रावागांजा) हो इवेंट घडलो.

तातूंत म्हाका अखिल गोंय गायन स्पर्धेंत दुसरें इनाम फावो जालें. कॉलेजिच्या व्हडल्या कार्यक्रमा मदलो एक कार्यक्रम (वॉयस ऑफ चौगुलेज) हया सर्तींत म्हाका पयलें इनाम मेळ्ळें. तातूंत 35 भुरग्यांनी वांटो घेतिल्लो. आनी कॉलेज उपविजेता थारली. रोकडेंच फन-विक (हायप- स्टोरीज) हया नावांन केलो. थंय म्हाका गावपाक दुसरें इनाम मेळ्ळें तशेच (मिस्टर चौगुले) हें दुसरें इनाम फावो जालें.

परिक्षा जाली आनी सगळे पेपर सुटले तें पळोवन काळजाक ऽऽऽऽ जालें. तिसरें वर्स कशें आयलें कळळेंच ना. फीस वाडली हें कळटकच काळजांत कल्ल जालें. जीइसी, एफसी, एइसी सारक्या विशयांची फाट सुटली पूण नाटकां आनी कादंबऱ्यो मानेर बसल्यो. वाचप म्हणल्यार जिवार येतालें कशेंय तरी वाचून शिकून तेवूय पास केलें. आंतर महाविद्यालयाचे इवेंट सुरु जाले. प्लेक्सस, अनंतरा, प्लेटोनीका, विस्तारा सारक्या इवेंटानी आमी नामनां जोडली. अनंतराक हांव राखणदार, महाकाली हे आंगार काटो हाडपासारके म्हजे अभिनव आसले. तशेंच जुगलबंदीक कोंबो जावन आमच्या प्रयोगाची सोबाय वाडयली. सगळ्यांक हांसयलें आनी त्या इवेंटाक आमी जैतीवंत थारलीं. प्लेटोनीका इवेंटाक आमी एका दिसाभितर पथनाट्य बसयलें आनी सगळ्यांचीं मना जिखून तोवूय इवेंट आमी जिखलीं. जनमत कौला दिसा हिस्ट्री विभागान आयोजित केल्ल्या मुस्तायकी सर्तींत भाग घेवन हांव पारंपारीक भाजीकान्न जावन हांवे पयलें इनाम काडलें तशेंच पथनाट्य स्पर्धेंत आमकां पयलें इनाम मेळ्ळें. सृजनोत्सव हो सुवाळो आमच्या विभागान घडोवन हाडलो. हया सुवाळ्याक आमी एकवटान काम करून कार्यावळ यशस्वी केली. हया सुवाळ्याक हांवें कविता सर्तींत, गीत गायन सर्तींत, फ्रूट कार्व्हिंग हया सर्तींनीं वाटो घेतिल्लो. रुमडामळांत आशिल्ल्या सरकारी शाळेंत आमी इंटर्नशीप केली तातूत आमी खूब कार्यावळी केल्यो तशेंच 'गोंयची पारंपारीक खाणां जेवणां' हया विशयाचेर आमी सर गुणाजी हांच्या मार्गदर्शनाखाला प्रकल्प केलो. हया तीन वर्सांच्या प्रवासांत हांव खूब कितें शिकलों. हया वाटचालींत म्हज्या शिक्षकांचो आनी आमच्या विभागांतल्या भुरग्यांचो आदार जालो तांचो हांव भोव उपकारी आसां.



## साक्षी नायक

### म्हजो सृजनोत्सवाचो अणभव

पार्वतीबाय चौगुले महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागांत 'सृजनोत्सव' नांवाचो सात दिसांची आंतर विभागीय कार्याक्रम आयोजीत केल्लो. हो कार्यक्रम 20 ते 27 ऑगस्ट 2022 हया दिसा जाल्लो. कार्यक्रमाचो पयलो दीस लॉअर ऑडीटोरीयमांत जालो. एका फुलांच्या रोप्यांक उदक घालून हया कार्यावळीची उक्तावण जाली. मुखेल सोयरे डॉ. हनुमंत चोपडेकार आशिल्ले. सृजनोत्सवाच्या सातय दिसांनीं वेगवेगळ्यो सर्ती आयोजीत केल्ल्यो. विशय पारंपारीक आशिल्लो. सगळ्या चलयांनी साडी आनी चल्यांनी कुर्ता घातिल्ले. दरएक सर्ती खातीर इव्हेंट को-ऑर्डिनेटर आशिल्ले. निबंद लेखन सर्तीचें हांव को-ऑर्डिनेटर आशिल्लें. मेहंदी सर्तींत हांवें वांटो घेतिल्लो. सृजनोत्सवाचो म्हजो अणभव खूब बरो आशिल्लो. आमच्या पुराय दोन वर्सांच्या कॉलेजीच्या जिवितांत ही कार्यावळ आमची पयली इंटर विभागीय कार्यावळ आशिल्ली. सगळ्या सर्तींनी वांटो घेवन आमकां खूब मजा आयली. हया कार्यक्रमांतल्यान आमकां जायत्यो महत्वाच्यो गजाली शिकपाक मेळ्ळ्यो. चोपडेकर सर आनी सगळ्या शिक्षकांनी दिल्लें भाशण खूब माहितीपूर्ण आशिल्लें. म्हजो एकंदर अणभव खूब बरो आशिल्लो आनी ही कार्यावळ म्हज्या पुराय कॉलेजीच्या जिवितांतली एक याद उरपी खीण आसतलो.

# आमचो एकवट



क्रायजा वालीस

एक एक घडी ती कॉलेजीची
सुखान आमी सारली
जिवीतात जायते वयर सकल जालें
पूण सांगातान आमी सारलें

एकमेकाचीं फोकाणां करून
सारले ते दीस मोगान
शिकपाच्या वेळार शिकून
एकामेकांक उतरां दिली मोगान

ऑनलायन क्लासींत कोण न्हिदतालीं
तर कोण चॅट करतालीं
एग्जामी वेळार एकामेकाची वळख नासताना
कॉनफरन्स कॉल करून पेपर बरयतालीं

सोहम एग्जामीच्या वेळार येतालो
म्हूणन म्हाका किते सांगा गो
तर हांव शाविरा आनी दिव्या
शिकयतालीं ताका बसून कॅटींनात

गुणाजी सर आमचो
कोंकणी विभाग मुखेली
सगल्या भुरग्यांक तो
आपलीच भुरगीं करी

ग्लिनीस मॅम आमच्या मोगाची
हासोवन ती दीस सारी
पूण शिकोपाच्या वेळार मात
जातली ती झासी की राणी

शिवानी मॅम हांसत्या तोंडाची
शेवटाक जाली इशटीण सगल्यांची

मागीर मात लॅक्चराक गेली सगली
सिंगल-डबल मेजर करून जाली झगडीं

पूण शेवटाक कोंकणी विभाग भुरगीं
मात एकवटान रावलीं
मेळोप तुमकां एक भाग आसले
तर हांव आयज खूब खोशी

एक एक घडी ती मोगाची
सिंगल मेजरान सांगातान सारली
सांगातान करून एक एक काम
आयज तोंडार हाडली खोशी

घडी ती प्रोजेक्टाची
सगल्याक पडलीं उतरां मोगाचीं
कोणाचो राग तर कोणाचो मोग
दिसलो ते घडयेक

साईशा, सीया दुसऱ्या वर्साचीं
हांसतें मुखामळ घेवून येतालीं
आदार दिवूंक सदांच राजी
टिवायचीं भुरगीं वयतात म्हूण
बाबडीं जाली दोगांय दुखी

सिंगल मेजरान जायतें सोसलें
पूण केन्ना सोडूंक ना एकामेकाक
एकामेकाचें सुख दुखाचे वांटे जावून
रावलीं एकामेकाच्या सांगाताक

सगल्याक पडलीं उतरां रागाची
कित्याक तुमी आसलीं भोव लागीं
सोहम, शाविरा, श्रेया, अनामिका
तुमचे लागीं खास मागतां माफी

अनवळखी आसली खरी
पूण एक फामील कशी जियेलीं
दवरून हांसो तो तोंडार
चिंतून मेळटलीं म्हूण मुखार

आदेवस तुमकां दिवचें ना
मेळटली फुडाराक
पळोवंक तुमचें हासतें तोंड
रावतलें आशेन सदांकाल

***संपादकाची मन की बात........***

आमच्या विभागाच्या मुखेल्यान तिसऱ्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांचें मनोगत आनी तांकां आमच्या महाविद्यालयांत शिकतना आयिल्ले अणभव, तांचे हावेस आनी उत्फर्के एकठांय करुन एक न्यूज लेटर करपाची इत्सा व्यक्त केली. हांवें ती जापसालदारकी मोटे उमेदीन म्हजेर घेतली.

कोंकणी विभाग हो चौगुले महाविद्यालयांतलो एक फांकीवंत विभाग. ह्या विभागांतल्यान आपलें शिक्षण पुराय करून गेल्ले कितलेशेच विद्यार्थी आमच्या राज्यांत वेगवेगळ्या मळार आपलें योगदान दितात. फाटलीं कितलींशींच वर्सां तांकां आपलें मनोगत व्यक्त करचेपासत आमचें ***पिकी पिकी काजुले*** हें न्यूज लेटर बेस बरी माची दिता.

विभागांतल्या जण एका शिक्षकाचें कार्य तितलेंच महत्वाचें आसा आनी दर एका विद्यार्थ्याक ताची जाणविकाय लेगीत आसा. देखून भावनांची आनी उत्फर्क्यांची मांडावळ करतना, तांचें संपादनाचें काम करतना शिक्षकांच्या नांवाची पुरावृत्ती जावंची न्हय हाची हांवें मुजरत जतनाय घेतल्या.

मनीस दर खिणाक नवो नवो अणभव घेत आसता. पावला पावलाक नवें कितें तरी शिकून घेवपाचो हावेस खूब लोकांक आसता. तसो म्हाकाय आसा. आमी शिक्षक भुरग्यांक शिकयतात खरीं, पूण आमी दर एका खिणाक कितें तरी नवें दर एका भुरग्या कडल्यान शिकून घेतात.

हालींच्या तंत्रगिन्यानाचो विचार केल्यार हें बेस बरें कळटा. हेच भशेन म्हज्या विद्यार्थ्यां कडल्यान हांव आयज मेरेन म्हाका खबर नाशिल्ल्यो खूबशो गजाली शिकलां. आनी त्यो तांच्या कडल्यान शिकलां हेंवय तितल्याच अभिमानान कसलीच लज धरी नासतना सांगतां.

आमच्या विभागाचे मुखेली सदांच आमकां सांगतात की मळबांत फकत एक नकेत्र परजळ्ळें वा बागेंत एकूच फूल फुल्लें जाल्यार चड सुंदर दिसचें ना. मळबांत जायतीं नकेत्रां परजळटलीं, बागेंत जायतीं फुलां फुलतलीं तेन्नाच ते सुंदरतायेंत भर पडटली. देखून आमच्या विभागांत शिकपी सगळीं भुरगीं आपलो पर्जळीत फुडार घडोवंक सक्षम आसपाक जाय. तांकां सक्षम करपाक आनी फुलपाक फावो तो आदार प्रत्येक भुरग्याक दिवप हें आमचें मुखेल कर्तव्य.

ह्या महाविद्यालयांतल्यान शिक्षण पुराय करून भायर सरतना तुमकां सगळ्यांक कोंकणी विभाग उपाट यश आंवडेता. फुडाराक व्हड मनाशां जावन तुमचे कडल्यान आनीकय खूब कितें कितें बरें केल्ले पळोवंक आनी शिकूंक मेळचें असो आमचो सगळ्यांचो हावेस आसा.